13th August 2026 8.40am

मुखेल खबरो

- संसदेच्या पावसाळी अधिवेशनाचो आयज निमाणो दीस. फाटल्या म्हयन्याच्या 20 तारखेक सुरू जाल्लें अधिवेशन, आयज सोंपतलें.
- विद्यार्थ्यांच्या प्रस्नां सयत, खंयच्याय विशयाचेर संसदेत चर्चा करपाक आनी जाप दिवपाक सरकार तयार आसा, अशें केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी सांगलां.
- पाकिस्तान हवाई दळान, काल बलुचिस्तानांतल्या सुरब जिल्ह्याचेर केल्ल्या हवाई हल्ल्यात, बायलां आनी भुरगीं सयत 30 परस चड नागरीकांक मरण आयलें आनी जायते लोक जखमी जाले.
- नायजेरियात सुरु आशिल्ल्या राष्ट्रकुल सर्तीच्या तिसऱ्या दिसा, भारतीय तलवारबाजी पंगडान, वेगवेगळ्या सर्तींनी तीन भांगरा, एक रुप्या आनी एक कांस्य पदक जोडलें.
- बंगालच्या खाडीत, कमी दाबाचे क्षेत्र निर्माण जाल्ल्यान, आज ओडिशा आणि पश्चिम बंगालात घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास भारतीय हवामान खात्यान उक्तायला.

संसद आयज -

संसदेच्या पावसाळी अधिवेशनाचो आयज निमाणो दीस. फाटल्या म्हयन्याच्या 20 तारखेक सुरू जाल्लें अधिवेशन, आयज सोंपतलें. खण आनी खनिज (उदरगत आनी नियमन) दुरुस्ती विधेयक, 2026 आयज राज्यसभा विचारा आनी संमत करपा खातीर घेवपाचे आसात. संसदेच्या दोनूय सभाघरांनी, आयज खाजगी वांगड्याचे कामकाजाचेर चर्चा जातली.

Bill Passed संसद -

संसदेन राष्ट्रीय सहकारी उदरगत म्हामंडळ (दुरुस्ती) विधेयक, 2026 संमत केलां. राज्य सरकारांक सहकारी उदरगतींत वांटो घेवपी खंयच्याय घटकाक, म्हामंडळा कडल्यान निधी दिवपाची परवानगी ह्या कायद्या प्रमाण आसा. तशेंच संसदेन केरळ (नांव बदलप) विधेयक, 2026 संमत केलां. केरळ राज्याचें नांव 'केरलम' करपाचो यत्न ह्या विधेयकांत केला. मजगती, परकी योगदान (नियमन) दुरुस्ती विधेयक, 2026, फुडले चवकशे खातीर संयुक्त संसदीय समिती कडेन धाडपाक लोकसभा आनी राज्यसभेन मान्यताय दिल्या. परकी योगदानाचो वापर चड पारदर्शकतेन करप, हो ह्या विधेयकाचो हेत आसा.

Amit Shah Sansad –

विद्यार्थ्यांच्या प्रस्नां सयत खंयच्याय विशयाचेर संसदेत चर्चा करपाक आनी वांगड्यांनी काडिल्ल्या सगळ्या प्रस्नांक जाप दिवपाक सरकार तयार आसा, अशें केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी सांगलां. सरकाराक कांयच लिपोवपाचें ना, अशें संसदेत पत्रकारांकडेन उलयतना मंत्री शाहा हाणी सांगलें.

Railway Budget -

भारतीय रेल्वेन १५३ कोटी रुपयां खर्चून अस्तंत रेल्वेच्या, गेरातपूर-अहमदाबाद विभागांतल्या चौपदरी पुलाच्या बांदकाम प्रकल्पाक, मान्यताय दिल्या. उत्तर-पूर्व रेल्वेच्या इज्जतनगर विभागाच्या ६६० किलोमीटर मार्गार भारतीय रेल्वेन २९५ कोटी रुपयांच्या अंदाजित खर्चासयत, कवच आवृत्ती ४.०क मंजुरी दिली. रेल्वे मंत्रालयान माहिती दिली की, भारतीय रेल्वेच्या उरिल्या विभागांचेर लाँग-टर्म इव्होल्यूशनच्या कम्युनिकेशन बॅक-बोनसयत कवचची तरतूद केल्या. मंत्रालयान सांगले की, मंजूर केल्ल्या कामामदी उत्तर-पूर्व रेल्वेच्या इज्जतनगर विभागाच्या उरिल्ल्या विभागांचो आसपाव आसा. कवच ही भारताची स्वदेशी बनावटीची स्वयंचलित रेल्वे संरक्षण प्रणाली आसा, जी रेल्वेच्या हालचालींर लक्ष दवरता.

किरेन रिजिजू -

नीट पेपर लीक प्रस्नाचेर निशेध वेळार घडिल्ल्या जायत्या घडणुकां विशीं, सविस्तर चर्चा करपाक आपूण तयार आसा, अशें परतून एक फावट सांगून, गृहमंत्री अमित शाहा हाणी लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला हांका पत्र बरयलां, अशें संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू हांणी सांगलें. संसद संकुलांत पत्रकारांकडेन उलयतना ताणी सांगले, कि विरोधी पक्ष जापो आयकुपाक सोदना आनी चर्चा करपाक मुखार येनात.

CBSE Results -

केंद्रीय माध्यमिक शिक्षण मंडळ (CBSE) न, यत्ता १२ वीच्या २०२६च्या पुरवणी परीक्षेचो निकाल जाहीर केला. 'डिजी-लॉकर रिझल्ट्स' पोर्टलावेल्या results.digilocker.gov.in या संकेतस्थळावेल्यान, विद्यार्थी आपलो निकाल पळोवंक शकतात.

Pralhad Joshi Scheme -

केंद्रीय शिक्षण मंत्री प्रल्हाद जोशी, मंत्रालयातल्या वरिष्ठ अधिकाऱ्यांच्या बसकेचे अध्यक्षपदार आसले. 'राष्ट्रीय साधन-सह-गुणवत्ता शिष्यवृत्ती योजना' २०२६-२७ ते २०३०-३१ या आर्थिक वर्षां मेरेन, सुरू दवरपाच्या प्रस्तावाचेर चर्चा करपाक ही बसका आयोजित केली, असे जोशी हाणी सोशल मीडियार एका पोस्टात नमूद केला. या बसकेत योजनेची मुख्य तांसा आणि देशभरात त्या विद्यार्थ्यांक आधार दिवपाक, ताची अंमलबजावणी सुरू दवरपा विशी चर्चा जाली.

HAR GHAR -

वंदे मातरमच्या भावनेन, भारताच्या स्वातंत्र्य लढ्याक प्रेरणा दिली आनी आयज लेगीत राष्ट्राची वळख घटमूट करता, अशे उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन हाणी सांगलें. राष्ट्रगीताची 150 वर्सां पुराय जाल्ली, म्हूण संस्कृती मंत्रालयान आयोजीत केल्ल्या 'हर घर तिरंगा' सायकल रॅलींत वांटो घेवप्यांक संबोधीत करतना ते उलयताले. मोहिमेंत सक्रीयपणान वांटो घेवचो आनी एकताय आनी सेवेची भावना घटमूट करची, अशें आवाहन ताणें नागरीकांक केलें.

Amit Shah Library -

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हाणी काल व्हिडिओ कॉन्फरन्सिंगावरवी 'ग्रामीण ज्ञान सेतू' ॲपचे उक्तावण केले. गुजरातच्या गांधीनगर लोकसभा मतदारसंघातल्या ग्रंथालयांक एकमेकांकडेन जोडपाक, हे ॲप विकसित केला. भुरग्यां मदी वाचन आणि शिक्षणाची आवड निर्माण करपाक, प्रत्येक गावात शक्यतो शाळांच्या लागी, ग्रंथालय सुरू करप हो या उपक्रमाचो उद्देश असल्याचे, तांणी सांगले.

Pakistan Baluchistan -

पाकिस्तान हवाई दळान, काल बलुचिस्तानांतल्या सुरब जिल्ह्याचेर केल्ल्या हवाई हल्ल्यात, बायलां आनी भुरगीं सयत 30 परस चड नागरीकांक मरण आयलें आनी जायते लोक जखमी जाले. पाकिस्तानी लश्कर आनी वायुसेनेन सुरबच्या थळाव्या आनी भोंवतणच्या वाठारांनी व्हड प्रमाणांत, बॉम्बस्फोट आनी फारपेट केल्ल्यान  नागरी मालमत्तेचें लेगीत व्हड लुकसाण जाला, असो दावो रिपब्लिक ऑफ बलुचिस्तान पंगडान केला. जखमी नागरीकांक सुरक्षा दळान ताब्यांत घेतले आनी थळाव्या रहिवाशी आनी अधिकाऱ्यांक आदार आनी बचाव कार्यावळी करपाक, आडायले असो आरोप संघटणेन केला.

हरियाली अमावस्या -

'हरियाली अमावस्या'निमित्त देशभरात ५०,००० परस चड रोपांची लागवड केली. केंद्रीय कृषी आणि शेतकार कल्याण तसेच ग्रामीण विकास मंत्री शिवराज सिंह चौहान हांच्या फुडारपणाखाला आणि 'वृक्ष मित्र परिवार'च्या सहकार्यान, राबोवपी देशव्यापी वृक्षारोपण मोहिमेचो हो एक भाग आसा. हे वेळार उलयताना चौहान हांणी म्हणले की, हो फक्त धार्मिक सण न्ही तर सैमाप्रती कृतज्ञता व्यक्त करपाची एक संधय आसा. प्रत्येक नागरिकाक दरवर्सा किमान एक झाड लावचे आणि या मोहिमेत सहभागी जावपाक प्रोत्साहित करपाचे आवाहन तांणी केले.

राष्ट्रकुल सर्ती -

नायजेरियाच्या लागोसांत काल जाल्ल्या, राष्ट्रकुल सर्तींच्या तिसऱ्या दिसा, भारतीय फेन्सिंग पंगडान, वेगवेगळ्या वैयक्तीक सर्तींनी तीन भांगरा, एक रुप्या आनी एक कांस्य पदक जोडलें. हाचे वांगडाच, टीम इंडियाची एकंदर पदकांची संख्या प्रभावी 29 पदकां मेरेन पावल्या. तातूंत 8 भांगरा, 7 रुप्या आनी 14 कांस्य पदकांचो आस्पाव आसा.

हवामान –

भारतीय हवामान खात्यान उत्तर बंगालच्या, उप दर्याचेर कमी दाबाचे क्षेत्र निर्माण जावपाचो अंदाज दिला, देखुन आज ओडिशा आणि गंगेच्या देगणात, पश्चिम बंगालात अतिवृष्टी जावपाची शक्यता आसा. हवामान विभागान सांगले की आज कर्नाटक, पूर्व उत्तर प्रदेश, गुजरात, तामिळनाडू, कराईकल, पुद्दुचेरी, अंदमान आणि निकोबार जुंवे, केरळम, गोवा आणि राजस्थानातुय घोग्यानी पावसाची शक्यताय आसा. तसेच मध्य प्रदेश, छत्तीसगड, हिमाचल प्रदेश, झारखंड, जम्मू-काश्मीर, लडाख, मध्य महाराष्ट्र, उत्तराखंड वाठारांत या महिन्याच्या १५ तारखेमेरेन अशीच हवामान स्थिती, उरपाची शक्यता आसा.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतुन एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- संसदेच्या पावसाळी अधिवेशनाचो आयज निमाणो दीस. फाटल्या म्हयन्याच्या 20 तारखेक सुरू जाल्लें अधिवेशन, आयज सोंपतलें.

- विद्यार्थ्यांच्या प्रस्नां सयत, खंयच्याय विशयाचेर संसदेत चर्चा करपाक आनी जाप दिवपाक सरकार तयार आसा, अशें केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी सांगलां.

- पाकिस्तान हवाई दळान, काल बलुचिस्तानांतल्या सुरब जिल्ह्याचेर केल्ल्या हवाई हल्ल्यात, बायलां आनी भुरगीं सयत 30 परस चड नागरीकांक मरण आयलें आनी जायते लोक जखमी जाले.

- नायजेरियात सुरु आशिल्ल्या राष्ट्रकुल सर्तीच्या तिसऱ्या दिसा, भारतीय तलवारबाजी पंगडान, वेगवेगळ्या सर्तींनी तीन भांगरा, एक रुप्या आनी एक कांस्य पदक जोडलें.

- बंगालच्या खाडीत, कमी दाबाचे क्षेत्र निर्माण जाल्ल्यान, आज ओडिशा आणि पश्चिम बंगालात घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास भारतीय हवामान खात्यान उक्तायला.